# मुख्यमंत्र्याच्या अध्यक्षतेखाला आयज घनरूप कोयर वेवस्थापन समितीची बसका जाली

ता. 22 ऑक्टोबर 2019

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या अध्यक्षतेखाला आयज सचिवालयातल्या परिशद सभाघरांत सोनसोडो कोयरा प्रकल्प आनी बायंगिणीच्या नियोजीत घनरूप कोयर वेवस्थापन प्रकल्पा वयल्या उच्चाधिकार समितीची बसका जाली.

विज्ञान,तंत्रज्ञान आनी कोयर वेवस्थापन मंत्री श्री. मायकल लोबो, नगर विकास मंत्री श्री. मिलिंद नाईक, विरोधी नेते आनी मडगांवचे आमदार श्री. दिगंबर कामत, फातोर्डाचे आमदार श्री. विजय सरदेसाय, कुडतरीचे आमदार श्री. आलेक्स रेजिनाल्ड, मडगांवच्यो नगराध्यक्षा डॉ. बबिता आंगले प्रभूदेसाय, मुख्यसचिव श्री. परिमल राय, दक्षिण गोंय जिल्हाधिकारी श्री. अजीत रॉय, नगरपालिका प्रशासन संचालक डॉ. तारीक थॉमस, भौशीक बांदकाम खात्याचे मुख्य अभियंता श्री. गोपाळ पार्सेकार, गोंय राज्य प्रदूशण नियंत्रण मंडळाच्यो वांगडी सचिव श्रीमती शर्मिला मोंतेरो, गोंय उद्‌देगीक विकास महामंडळाचे वेवस्थापकीय संचालक श्री. एस. व्ही. नाईक, वित्त सचिव श्री. सुनिल मसुरकर, मडगांव नगरपालिकेचे मुख्याधिकारी श्री. सिध्दीविनायक नाईक, विज्ञान आनी तंत्रज्ञान खात्याचे संचालक श्री. लेविन्सन मार्टिन, गोंय राज्य नगर विकास महामंडळाचे वेवस्थापकीय संचालक श्री. श्रीनेत कोठवाळे, एड. पडियार आनी हेर अधिकारी बसकेक हजर आशिल्ले.

बसकेत उलयताना मुख्यमंत्र्यान कोयराची समस्या सोडोवपा खातीर सोनसोडो कोयरा प्रक्रिया प्रकल्पाविशीं योग्य उपाय काडपाची गरज आशिल्ल्याचे सांगून फोमेन्तो कंपनी आनी मडगांव नगरपालिका हांचो मदलो प्रस्न सरकार सोडयतलो म्हणपाचे उतर दिले. हांव स्वता फोमेन्तो कंपनीच्या अध्यक्षा कडेन चर्चा करून लोकहिताखातीर सोनसोडो प्रकल्प गोंय घनरूप कोयर वेवस्थापन महामंडळाकडेन दिवपाची विनंती करतलो, अशें मुख्यमंत्र्यान सांगलें.

एड. पडियार हांणी सोनसोडो प्रकल्पाविशीं न्यायालयात आशिल्ल्या खटल्याच्या वस्तुस्थितीची म्हायती दिली.

श्री. लेविन्सन मार्टिन हांणी सोनसोडो वयल्या सध्य परिस्थितीची म्हायती दिली.

बसकेत बायंगिणीच्या नियोजीत घनरूप कोयर प्रक्रिया प्रकल्पाचेरय चर्चा जाली.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2019/724

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA